## भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# एक देवळाचो फुडारी जेजूक भेट दिता


बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Maillot; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस



सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org



©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.


देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



जेजू एक दीस देवळांत गेलो तेन्ना ताका लोक देवाच्या घराची बेइज्जती करपी दिसले. ते जनावरां विकताले आनी देवळांतच पयशांची अदलाबदल करताले!




दोरयांनी चाबका करून जेजून वेपाऱ्यांक देवळांतल्यान धांवडावन घाले. “ह्यो गजाली काडून उडोवच्यो” ताणें आदन्या केली. “म्हज्या बापायचें घर वेवसायाची सुवात करुं नाका.” जेजूक आपल्या बापायच्या घराचो मोग आशिल्लो.
3


जेजूक देवूळ निवळ करपाचो अधिकार आसा हें दाखोवपाक फुडाऱ्यांनी एक चिन्न मागली. “हें देवूळ नश्ट कर आनी हांव तीन दिसांनी तें बांदतलों” अशें जेजून जाप दिली. अशक्य! हें देवूळ बांदपाक छियाळीस वर्सां लागलीं.
4


पूण जेजून आपल्या कुडी विशीं उलयलें. देवळा प्रमाण ताची कूड देवाची रावपाची सुवात आशिल्ली. जेजू खुर्सार मरतलो तरी ताका खबर आशिल्लें की देव ताका तिसऱ्या दिसा मरणांतल्यान जिवंत करतलो.
5


रातच्या वेळार देवळाचो एक मुखेली जेजूक भेट दितालो. ताका चमत्कारांनी कळ्ळें की जेजूक देवान धाडला. देवा विशीं चड जाणून घेवंक निकोदेम जेजू कडेन आयलो.
6


जेजून निकोदेमाक सांगलें की देवाच्या राज्यांत प्रवेश करुंक लोकांक परतून जल्म घेवंक जाय. निकोदेमाक समजलें ना. व्हडलो मनीस परतून बाळक कसो जावंक शकतालो? तेभायर तो धर्मीक आशिल्लो. तें पुरो जालें ना?
7


“आत्मा थावन जल्मल्लो तो आत्मो” जेजून स्पश्ट केलें. “देवाचो आत्मो वाऱ्या सारको. लोकांक वारें दिसना वा समजना. तांकां फकत वारो कितें करता तें दिसता.”
8


जेजून निकोदेमाक इज्रायलाच्या भुरग्यांनी
मोयजेसा कडेन कागाळ केल्ल्याची याद करून दिली.
“आमचे कडेन जेवण ना, उदक ना आनी देव दिवपी
आमकां ही भाकरी नाका” अशें ते रडलें.
9
लोकांच्या पातकाक लागून देवाक
राग आयलो. ताणें तांचेमदीं अग्नीमय
नाग धाडले. नागांनी लोकांक चाबले.
जायत्या जाणांक मरण आयलें.
10
“आमी पातक केलां. सर्वेस्पर
सोरोप काडून उडोवंक मागणें
कर” लोकांनी विनवणी केली.
देखून मोयजेसान तांचे खातीर
मागणें केलें. पूण देवान ते नाग
काडले नात.
11
देवान मोयजेसाक उज्याचो
सोरोप तयार करून तो खांब्याचेर
दवरपाक सांगलें. “खांब्याचेर
आशिल्ल्या सोरपाक पळयतना
चाबलेले सगळे जियेतले” अशें देवान
उतर दिलें. मोयजेसान कांश्याचो
सोरोप तयार केलो आनी ताका
पळोवपी बरे जाले.
12
जेजून निकोदेमाक सांगलें की
मनशाच्या पुताक कांश्याच्या
सोर्पा सारकोच उखलपाक
जाय. जेजू त्या खुर्सा विशीं
उलयलो, जाचेर
तो पातक्यां
खातीर मरतलो
13
जेजून म्हणलें, “देवान
संवसाराचो इतलो मोग
केलो की ताणें आपलो एकलोच
पूत दिलो, ताचेर विस्वास
दवरपी कोण नाश
जावचो ना
पूण सासनाचें
जिवीत मेळटलें.”
14




15




16




17

एक देवळाचो फुडारी जेजूक भेट दिता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

जुआंवव २-३, संख्या २१

"तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता"
स्तोत्र 119:130

18




41 60

19

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16

20